प्रादेशिक खबरो

28.05.2025 @ 7.25

DIP 110

2021 वर्सा राज्यपाल श्रीधरन पिल्लई हांणी गोंयचे राज्यपाल म्हणून पदभार घेतले उपरांत राज्यांतल्या लोकां मेरेन पावपा खातीर आनी तांकां जोडपा खातीर 'गोवा ग्राम संपूर्ण यात्रा', 'सैमिक दायज यात्रा', 'द्वीप परिचय यात्रा' आनी 'गोवा गिरियारोहण यात्रा' अशीं जायतीं यात्रां पुराय गोय भरात हातांत घेतल्या. राज्यपालांनी हालींच नवी " खुशाल कल्याण यात्रा" सुरू करपाची घोशणा केल्या, जी वेगवेगळ्या पवित्र थळांक भेट दितली. हे यात्रे वेळार राज्यपाल ह्या प्रार्थना स्थळांचेर प्रार्थना करता आनी गोंय आनी राष्ट्राची शांती, सुख आनी कल्याणा खातीर आशीर्वाद मागतात राज्यपाल पिल्लई श्री शांतादुर्गा बाळ्ळीकरीण देवस्थान, बाळ्ळी, श्री निराकार देवस्थान, माशे लोलये, माणो-शोभा कला घर, माशे लोलये, हुतात्मा स्मारक, पैंगीण, श्री बेताळ देवस्थान पैंगीण, झमातुल मस्जिद, कुंकळ्ळी आनी अवर लेडी ऑफ हेल्थ चर्च, कुंकळ्ळी ह्या धार्मिक थळांक आज भेट दितले.

Fishery 20

सरकार नुस्तेमारी क्षेत्राच्या उदरगतिक चालना दिवपाक जायत्यो योजना चालिक लायतात. आता आयकात आकाशवाणी पणजीन ह्याच संदर्भात तयार केल्लो मानसी चंदगडकर हाणी धाडिलो हो

सुभाष 150

सरोजनी दामोदरन फावंडेशन ह्या आप वावूरपी संस्थेन अर्थिक नदरेन मागाशील्ल्या हुशार गोंयकार विद्यार्थाखातीर शिष्यवृत्ती येवजण जाहीर केल्या. 'विद्याधन गोवा' ह्या नावान ही येवजण गोंयात चालीक लागतली. ह्या येवजणेखाला देशभरात आतामेरेन ५१ हजार शिश्यवृत्ती दिल्यात. विद्याधन शिश्यवृत्ती पात्रताय मेळोवपाक धावेची परीक्षा ७५ टक्के वा चड गुणांनी पास जावपाक जाय. ज्या पालकांची वरसुकी येणावळ ४ लाखा परस उणी आसा ते वियार्थी ह्या येवजणे खातीर पात्र थारतले. तांकां सुरवेक १० हजार रुपया वर्साक अशी दोन वर्सांची शिश्यवृत्ती मेळटली. मुखार बरो अभ्यास केल्यार तांकां तांच्या आवडीच्या खंयच्याय पांवड्यार वचपाक शिश्यवृत्ती दितले. पदवी शिक्षणा खातीर शिश्यवृत्तीची रक्कम वर्साक १० हजार ते ७५ हजार रुपया मेरेन आसता. तशेंच वेंचून काडिल्ल्या विद्यार्थ्यांक सॉफ्ट स्किल आनी करिअर समुपदेशनाचेर प्रशिक्षण दितात. पात्र विद्यार्थ्यांनी ८ जुलय २०२५ मेरेन www.vidyadhan.org चेर लॉग इन करून ऑनलायन अर्ज करूं येता अशे सरोजनी दामोदरन फावंडेशन ह्या आप वावूरपी संस्थेन कळीत केला.

सुशांत 170

मडगावच्या वेगवेगळ्या प्रस्नांचेर चर्चा करुन उपाय काडपाखातीर मडगांवां दक्षिण गोंय जिल्होधिकारी कार्यालयांत अतिरिक्त जिल्होधिकारी रमेश गांवकार हांच्या अध्यक्षतेखाला बसका जाली. हे बसकेंत मडगांवचे आमदार दिगंबर कामत, नगराध्यक्ष दामोदर शिरोडकार आनी संबंदीत अधिकारी हाजीर आशिल्ले. मडगावात पांच सुवातींनी गटाराचे उदक व्हावून व्हरपी पायपलायन बसोवप शक्य ना. तेखातीर ताचेर उपाय म्हणून नवे तंत्रज्ञान वापरुन ही पायपलायन घालतले अशी म्हायती कामत हांणी दिली. हे खातीर मुंबयच्या एका कंपनीन नवे तंत्रगिन्यानाची रचना केल्या. हे कंपनीन सर्वेक्षणूय केलां आनी

फुडल्या आठ दिसांत खर्चाचो अदमास तयार करून जूनाच्या पयल्या सप्तकांत खात्याक सादर करतली. ते उपरांत कामा खातीर निविदा जाहीर करतले अशें कामत हांणी सांगलें. हे बसकेत मडगावांतल्या पोरन्या आनी असुरक्षित इमारतींच्या प्रस्नांचेरय चर्चा जाली. ह्या इमारतींचे सर्वेक्षण करुन तेविशीं कितें करपाचे ते थारायतले अशें तांणी सांगलें. मडगांवांत अश्यो 22 इमारती सांपडल्यात. तांचे विशीं जिल्लोधिकारी निर्णय घेतले आनी पावसा उपरांत ही प्रक्रिया सुरू जातली अशी म्हायती कामत हांणी दिली.

हवामान 85

गोंयांत खुपशा सुवतिनि दडकानी पावस पडतलो आनी वराक ४०-५० किमी वेगान वारे व्हावपाची शक्यता आसा अरबी दर्यावेले ढग पेडणे बारदेज दिवचल , तिसवाडी, मुरगाव, सळसेट आणि केपे या तालुक्यांकडे सरकतात. ह्या वादळी मोसमात, हवामान खात्यान काय सूचना दिल्यात. गडगडाच्या वेळार उक्त्या जाग्यार आनी शेतांत काम करप टाळचें. गडगडाच्या वेळार उंच झाडां आनी इमारती सकयल आलाशिरो घेवप टाळचें. वीज आनी खर वारें येतना वीज लायनी आनी दुबळ्या इमारतीं पासून पयस रावचें. विद्युत उपकरणां वापरप टाळचें. उपकार करून आयएमडीन जारी केल्ल्या नवीनतम अदमास आनी म्हायती कडेन अद्ययावत रावचें

आणि इतल्यान हयो प्रादेशिक खबरो सोपलयो. आमचयो मुखवेलयो खबरो आयकात सांजेच्या ७.२०
नमस्कार